**एसईसी-न कोविड-19 स्थिती हाताळपाक घेतिल्ल्या वेगवेगळ्या पांवड्यांचो नियाळ घेतलो**

पणजी, 23 एप्रिल, 2020

21 एप्रिल, 2020 दिसा पणजीच्या वन भवनांत जाल्ले राज्य कार्यकारिणी समितीचे (एसईसी) बसकेंत कायदो आनी सुवेवस्था, ट्रकांची येरादारी, मजत आनी निवारो आनी कोविड स्थितीचो नियाळ सारख्या जायत्या मुद्यांचेर चर्चा जाली. मुखेल सचीव श्री. परिमल राय, आयएएस हांच्या अध्यतेखाला जाली आनी हे बसकेक विज्ञान आनी तंत्रज्ञानाचे प्रधान सचीव श्री. पुनीत गोयल, येरादारी सचीव श्री. एस.के. भंडारी आनी महसूल सचीव, राज्य कार्यकारिणी समितीचे वांगडी सचीव, आनी एसडीएमए श्री.संजय कुमार आनी हेर अधिकारी उपस्थीत आसले.
आरोग्य सचीव, मीस. निला मोहनन हांणी कळीत केले की, घरां-घरांच्या सर्वेक्षण डेटाचो नियाळ केले उपरांत गोमॅको-चे, प्रोफेसर तशेंच प्रिव्हेन्टीव्ह आनी सोशल मॅडिसीन विभागाचे मुखेली डॉ. जगदीश काकोडकार हांच्या अहवालाचेर आदारीत आयएलआय लक्षणां आशिल्ल्या केशींनी 22 एप्रिल सावन प्राधान्याचेर चाचणी करपाक सुरवात करतले.
अधिकृत मान्यताये बगर गोंयांत प्रवेश करपी मनशांचे स्क्रिनींग करपाक भलायकी खातें निवारक उपाय येवजण्यो आखता अशीय माहिती दिली. तशेंच, जिल्लोधिकाऱ्याच्या कार्यालयांत मेडिकल इमरजन्सी खातीर वाहतूक परवाने अर्जींची छाननी करपाक सुविधेचो कसलोंच गैरवापर जावचो न्हय म्हूण भलायकी वेवसायिकांच्या पथकाची नेमणूक केल्या. तेंच तरेन, आंतर- राज्य प्रवासाचेर देखरेख दवरपाक जीईएलाक सद्याचे ऑनलायन पोर्टलांत (https://goaonline.gov.in) बदल करपाचे काम दिल्ले आसा.
हालींच एसईसी-न निर्णय घेतिल्ले प्रमाणें, फेस शिल्ड संपादन केल्ल्याची खात्री मीस. मोहनन हांणी दिली. एसईसीन, शिमेचेर वावुरपी स्टाफाक वा भौसा मदीं जांचो संपर्क चड जाता तांका हांचे वितरण करपाक जिल्लोधिकाऱ्याक निर्देश दिले. तांणी अशेंय कळीत केले की, 1,000 थर्मल गन्स दिल्लींतल्यान वाहतुकी खातीर तयार आसून खासा विमानांतल्यान तांची वाहतूक गोंयांत जातली.
पीसीई(पीडब्लूडी), श्री. यूव्ह.पी. पार्सेकार हांणी कळीत केले की, साळावली धरणाचेर वीज पुरवण खंडीत आशिल्ल्यान दक्षिण जिल्यांतल्या कांय वाठारांनी उदकां पुरवणेंत बाधा आयली. तरीयपूण, 22 एप्रिल मेरेन उदका पुरवण सामान्य जावपाची आस्त आसा अशेंय कळीत केला.

वारो आनी पावसाचो नेट चड आशिल्ल्यान दोनूय ट्रन्समिशन लायनी मोडिल्ल्यान, सांगें म्हालांत वीज पुरवणेंत जायत्या प्रमाणांत खंड पडलो अशी माहिती सीई(विद्यूत), श्री. आर.जी. केणी हांणी दिली. तरीयपूण, आता वीज पुरवणेंत सुधारणां जाल्ल्याचेय कळीत केले.
जायत्या खात्यांतली वावरांत आशिल्ली कामां सुधारल्यांत अशी एसईसी-न नोंद केली. माहिती मेळिल्ल्या प्रमाणें, पीडब्लूडी-ची 54 कामां भितरली 34 कामां, विद्युतांतली 7 मदलीं 3 कामां, डब्लूआरडी-ची 47 कामां भितरलीं 18 कामां, जीएसयूव्हडीए-ची 9 कामांतली 4 कामां, आनी जीएसआयडीसी-तली 197 कामां भितरली 49 कामांक सुरवात जाल्या. गृह वेव्हार मंत्रालयाच्या आदेशांचे सक्त पालन करचे अशी शिटकावणी आनी सल्लो एसईसी-न दिलो.
खात्याक तात्काळ कुशळ यंत्रणाची गरज आसून, ती यंत्रणां गोंया भायल्यान तीन ऑपरेटरां सयत येवपाची आसात अशी माहिती सीई (डब्लूआरडी), श्री. श्रिकांत पाटील हांणी दिली. हे ऑपरेटर कामांक सुरवात करचे पयली चांचणी आनी विलगिकरण करपाक तयार आशिल्ल्याची

माहिती तांणी दिली. चाचणी आनी विलगिकरण कायद्याचे पालन करता हाची खात्री करपाक भलायकी सचिवाच्या संपर्कांत रावचे अशें एसईसी-न तांका निर्देश दिले.
वावराच्या जाग्यार वा भौशीक सुवातांचेर फेस कवर वापरिनास्तना एनईसी-च्या निर्देशांचे पालन करिनाशिल्ल्यांचेर कारवाय करपाक दंडाची आकारमात्रताय थारावपाक आपूण वावुरता अशी माहिती कायदो सचीव, श्री. सी.आर. गर्ग, आयएएस हांणी दिली.
सिमेवेल्या चॅकपोस्टांचेर नेमिल्या कार्यकारी दंडाधिकाऱ्यांचे भुमिके विशीं समितीन अशें स्पश्ट केले की, ते ह्या चॅकपोस्टाचे प्रभारी अधिकारी आसून ह्या चॅकपोस्टाचेर काम करपी अबकारी, पुलिस वा हेर वेगवेगळ्या विभागांचे सगळें कर्मचारी तांका अहवाल सुपुर्द करतले.
शार गॅस वितरण नॅटवर्का विशीं काम करप्यां खातीर गेल गॅस लिमिटेड (जीजीएल) आनी भारत पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड (बीपीसीएल) हांचो सयुक्त उद्देग आशिल्ल्या गोवा लॅचरल गॅस प्रा. लिमिटेड हांणी मान्यताय मागिल्ल्याचे उत्तर गोंय जिल्लोधिकारी आर. मेनका हांणी सांगलें. तेच प्रमाणें, पावर ग्रीड कॉर्पोरेशन इंडिया लिमिटेड हांणीय पेट्रोलींग आनी देखरेखीची कामां करपाक तांचे कर्मचारी/कामगार आनी वाहनां यो-वच करपा खातीर मंजुरी मागयल्या. एमएचए-न जारी केल्ल्या दि. 15/04/2020 च्या सुधारीत मार्गदर्शक तत्वां प्रमाणें तांका मान्यताय दिवपाचे निर्देश राज्य कार्यकारिणी समितीन जिल्लोधिकाऱ्यांक दिला. पूण, तांणी राज्यांत आशिल्लोच कर्मचारी वर्ग वापरचो असो आदेश दिवचो अशेंय सांगला.

सद्याचे परिस्थितींत दंत चिकित्सालया चालू करपाक मंजुरी दिवप शक्य ना अशे समितीन स्पश्ट केले. तरीयपूण, आकांत काळात दंत महाविद्यालयांत वचूं शकता अशेय सांगले.
दर वर्सा प्रमाणें काजुची पावणी करपाक अतिरिक्त पीसीसीएफ श्री. संतोष कुमार हांणी मान्यताय घेतली. हें काम मान्यताय दिवपा सारखे आशिल्ल्याचेय समितीन स्पश्ट केले. तरीयपूण, हे करतना सामाजीक अंतर आनी हेर सुरक्षा उपायांचे पालन करपाच्यो सुचोवण्यो समितीन दिल्यो.
शेजारच्या राज्यांतल्यान जावपी भाज्यांचो पुरवठो सामान्य जाल्ल्याचे कृषी सचीव श्री. कुलदीप सिंग गांगर हांणी सांगलें.
भलायकी कर्मचाऱ्यांक सरकारी कर्मचाऱ्यां खातीर आशिल्ल्या 206 कदंबा बसींतल्यान प्रवास करपाक मंजुरी आशिल्ल्याचे राज्य कार्यकारिणी समितीन स्पश्ट केले. तांका खास मार्गावेल्यान गाडयो जाय आसल्यार ते केटीसीएल कडल्यान कंत्राटाचेर घेवंक शकतात अशेय कळीत केले.
पत्रादेवी शीम चॅकपोस्टाचेर इंटरनॅट कनॅक्टीवीटीचे समस्येविशीं आयटी संचालक अंकिता आनंद हांणी समितीक माहिती दिली. वेवस्थीत कनॅक्टीवीटी मेळपा खातीर सगळे उपाय चालू आशिल्ल्याचे तांणी सांगले.
DI/NB/JA/SAG/PP/CR/2020/1909

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA